**मुंबय उच्च न्यायालयाच्या नव्या इमारतीचे फाल्या उक्तावण**

ता. 26 मार्च 2021

पर्वरी हांगा बांदिल्ल्या मुंबय उच्च न्यायालयाच्या नव्या इमारतीचे उक्तावण फाल्या ता. 27 मार्च 2021 दिसा भारताचे सरन्यायाधिश शरद ए. बोबडे हांचे हस्तुकीं कैंद्रीय कायदोमंत्री श्री. रवी शंकर प्रसाद, गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुंबय उच्च न्यायालयाचे मुख्य न्यायाधिश दीपंकर दत्ता, गोंय खंडपीठाचे न्यायाधिश महेश एस. सोनक आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत जातले.

तशेंच उक्तावण सुवाळ्याक सर्वोच्च न्यायालयाचे पाच न्यायाधिश, मुंबय उच्च न्यायालय आनी ताच्या औरंगाबाद, नागपूर, गोंय खंडपीठाचे सुमार 62 न्यायाधिश, गोंयचे कायदोमंत्री श्री. निलेश काब्राल, एडव्होकेट जनरल श्री. देवीदास पांगम आनी हेर मानेस्तंय सुवाळ्याक हजर रावतलें.

गोंय राज्य साधनसुविधां विकास म्हामंडळान बांदिल्ल्या मुंबय उच्च न्यायालयाच्या नव्या दोन माळ्यांच्या इमारतीत सात न्यायालय सभाघरां, नोंदणी आनी लेखा विभाग, वाचनालय, शिश्टाचार विभाग, परिशद सभाघर, न्यायाधिश आनी रजिस्टराखातीर चेंबर्स आनी हेर सुविधां आसात.

तशेंच वॉशरूम, ज्येश्ट नागरिकांक रूम, कॅन्टीन, ऑडियो व्हिज्युअल, ब्रेल सुविधा, वकीलांखातीर रूम आनी गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरण कर्यालयाखातीर जागो आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/355

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji